# पोर्ट्रेट पेंटिग कार्यशाळेचे उक्तावण

ता. 7 फेब्रूवारी 2018

18 माघ 1939

मिनेझिस ब्रागांझा संस्था, गोवा कला महाविद्यालय आनी अखिल गोंय कलाकार संघटनेच्या सहकार्यान मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरात आयोजीत चित्रांकुर ह्या पोर्ट्रेट पेंटिग कार्यशाळेचे आयाज जेश्ठ चित्रकार श्री. आनंद ठोंबरे हांचे हस्तूकीं उक्तावण जालें.

मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेचे अध्यक्ष श्री. संजय हरमलकर हांणी कार्यशाळेच्या उक्तावण कार्यक्रमात उलयताना चित्रकारांनी आपले चित्रकलेचे काम अखंड चालू दवरप म्हत्वाचे आशिल्याचे सांगले. प्रत्येक कला ही देवाची देणगी आसता आनी खंयच्याय मळावयल्या कलाकारांन प्रदर्शनातल्यान आपल्या कलेक न्याय दिवपाची आवश्यकता आसता, अशें तांणी फुडें सांगले.

श्री. ठोंबरे हांणी विद्यार्थ्यांक पुराय आवडीन आनी एकाग्रतेन चित्रकला शिकपाचो सल्लो दिवन चित्रकला आमी सगळ्यांनी टप्प्याटप्प्यान शिकपाक जाय, अशें सांगले.

गोंय कला महाविद्यालयाचे प्राचार्य श्री. महेश वेंगुर्लेकर हांणी तीन दिसाच्या कार्यशाळेच्या कार्यक्रमाची म्हायती दिली. नामनेचे चित्रकार श्री. दत्तात्रय पाडकर आनी देवदत्त पाडकर हे युवा पोर्ट्रेट पेंटर आनी कला शिक्षकांक प्रात्यक्षिकासयत मार्गदर्शन करतले. ह्या वर्साच्या कार्यशाळेत विद्यार्थी आनी शिक्षकांचो सहभाग आसून पेपर रिडिंग ही नवी संकल्पना आसा. चित्रकार आपल्या चित्रांची सखोल म्हायती करून दितले.

श्री. अमोल पांगी हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. संस्थेचे वांगडी श्री. गोरख मांद्रेकर हांणी निमणे उपकार मानले.